## तरणाटे हे म्हत्त्वाचो आनी निर्णायक घटक: सावंत

## सीईओ वतीन युवा मतदान महोत्सवाचे आयोजन

ता. 29 नोव्हेंबर 2021

गोंयांत 11.40 लाख मतदारांमदी सुमार 26,239 मतदार हे 18 - 19 वर्सां पिरायेचे आसून जांका नवीन मतदार म्हणटात आनी ते एका तरेन निर्णायक घटक आसात आनी ताका लागून वेंचणूकेत हो घटक खूप म्हत्वाचो आसा. वेंचणूकेत तरणाट्यांचे मतदान 100 टक्के आसप गरजेचे आसा, पुण एका सर्वेक्षणा प्रमाण अशें केन्नाच जायना, कारण कांय विद्यार्थ्यांक मतदानात आवड नासता. नावनोंदणीच्या वेळार जो निर्धार दाखयतात तोच निर्धार तरणाट्यांनी मतदानात दाखोवपाक जाय, अशें अतिरिक्त मुख्य वेंचणूक अधिकारी श्री. नारायण सावंत हांणी सांगलें.

श्री. सावंत आयज पर्वरी हांगाच्या संजय सेंटर फॉर स्पेशल एज्युकेशन संस्थेच्या मनोहर पर्रीकर मेमोरिअल सभाघरांत आयोजीत युवा मतदान महोत्सवात मुखेल सोयरे म्हणून उलयताले.

उच्च शिक्षण संचालनालयाचे अतिरिक्त संचालक डॉ. जेर्वासिओ एस.एफ.एल. मेंडीस, बार्देसचे जोड मामलेदार श्रीमती वर्षा एस. परब, उत्तर गोंय जिल्हा आयकॉन, श्री. जॉन आगीयार, विद्या प्रबोधिनी कॉलेज ऑफ कॉमर्स, एज्युकेशन, कॉम्प्युटर अँड मॅनेजमेंटचे प्राचार्य डॉ.भूषण भावे, संजय सेंटर फॉर स्पेशल एज्युकेशनच्यो वांगडी सचिव श्रीमती नितल आमोणकर ह्या वेळार उपस्थित आशिल्ल्यो.

विद्या प्रबोधिनी कॉलेज ऑफ कॉमर्स, एज्युकेशन, कॉम्प्युटर अँड मॅनेजमेंटचो एनएसएस विभाग आनी संजय सेंटर फॉर स्पेशल एज्युकेशन, पर्वरी हांच्या जोड पालवान मुख्य वेंचणूक अधिकारी कार्यालयान ह्या युवा मतदार महोत्सवाचे आयोजन केल्ले.

उच्च शिक्षण संचालनालयाचे अतिरिक्त संचालक डॉ. जेर्वासिओ मेंडीस हांणी म्हणलें, भारतीय वेंचणूक आयोग लोकशाहीच्या ह्या उत्सवात सगळ्यां तरणाट्यांक सहभागी करून घेवपा खातीर प्रयत्न करता आनी त्या खातीर देशभरांत युवा मतदार महोत्सव आयोजीत करपात येता.

तांणी तरणाट्यांक आपली नैतिक जबाबदारी वळखून मतदानात सहभागी जावपाचो आनी कसल्याच आमिशाक बळी पडनासतना मतदान करपाचो सल्लो दिलो

विद्या प्रबोधिनी कॉलेज ऑफ कॉमर्स, एज्युकेशन, कॉम्प्युटर अँड मॅनेजमेंटचे प्राचार्य श्री. भूषण भावे हांणी येवकाराचे उलवप केले.

ह्या वेळार महोत्सवात आयोजीत विंगड विंगड सर्तीच्या जैतवंतांक इनामां भेटयली तशेंच बूथ लेव्हल अधिकाऱ्यांचो उत्कृश्ट कार्याखातीर सत्कार केलो.

संजय सेंटर फॉर स्पेशल एज्युकेशनचे अध्यक्ष श्री. गुरुप्रसाद पावसकर हांणी निमाणे उपकार मानले. एनएसएस निमंत्रक आनी अर्थशास्त्राच्यो सहाय्यक प्राध्यापीका डॉ. शामल देसाई हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/998

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji